Date : 20/05/2025 6.30 PM

70

सरकारान देशभरांत हजारांनी भलायकी केंद्रांचें व्हडलें जाळें स्थापन केल्ल्यान भारत भलायकी सुदारणांच्या केंद्रस्थानी आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी स्पश्ट केलें . 58 कोटी लोकांक फुकट उपचारा मेळपाखातीर संवसारांतली सगळ्यांत व्हडली भलायकी आयुष्मान भारत विमो येवजण चालीक लायल्या अशें ताणी सांगलें. ताणी आयज स्वित्झर्लंडांतल्या जिनीव्हा शारांत जाल्ल्या संवसारीक भलायकी संघटनेच्या 78व्या अधिवेशनांत व्हर्च्युअली उलोवप केलें. भलायकेन भरिल्ल्या संवसाराचो फुडार समावेशकता, एकात्मिक पद्दत आनी सहकार्याचेर आदारून आसा अशें ताणी मुखार सांगलें.

30

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी देशांतल्या पर्यटन वाठारात जाल्याउदरगतीविशीं आयज नियाळ बसका घेतली. हे बसकेंत पर्यटन मंत्री गजेंद्र सिंग शेखावत आनी पर्यटन राज्यमंत्री सुरेश गोपी आनी हेर वडिल अधिकारी हाजीर आशिल्ले

65

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयतारा 22 तारखेक राजस्थानांतल्या बीकानेरांत 26 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाचे जायत्या उदरगत प्रकल्पनचे उक्तावण करतले आनी काय प्रकल्प राष्ट्राक समर्पित करतले . रेल्वे, रस्ते, उर्जा, उदक, नवे आनी नवीकरणीय क्षेत्रांत ह्या प्रकल्पांची म्हत्वाची भुमिका आसतली. तशेंच प्रधानमंत्री 18 राज्यां आनी केंद्र प्रदेशांतल्या 86 जिल्हयांतल्या 103 पुनर्विकसीत केल्ल्या अमृत स्टेशनांचें उक्तावण करतले आनी बीकानेर मुंबय एक्सप्रेस गाडयेक पाचवो बावटो दाखयतले .

अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी वाडत वचपी भूराजनीतीक आनी पर्यावरणीय आव्हानां मदीं भारत घरगुती उदरगतीचेर निंबून आशिल्ल्यान बाजारपेठेचेर नियंत्रण आनी स्वातंत्र्य हांचे मदीं समतोल दवरपाच्या गरजेचेर भर दिलो .आयज नवी दिल्लींत भारतीय स्पर्धा आयोगाच्या सोळाव्या वर्सुकी दिसाच्या कार्यावळीत त्यो उलयताल्या. फाटल्या वर्सांनी संवसारांत जायत्यो आडमेळी आयल्यात देखून घटमूट, जापसालदार दृश्टीकोन आशिल्ल्या संस्थांची गरज निर्माण जाल्या . भारतांत मालमत्तेचें मुद्राकरण, विनिवेश आनी डिजिटल

भौशीक मुळावी बांदावळ अशे सगळे संरचनात्मक सुदारणा यत्न बाजारपेठेची तांक उक्ती करपाचे आनी सर्त वाडोवपाचे दिकेन जाल्यात अशें तांणी सांगलें.

विदेश  सचीव विक्रम मिस्त्री ऑपरेशन सिंदूराचेर भारताच्या राजनयिक प्रचाराचो भाग म्हण परदेशांत धाडपी सर्वपक्षीय प्रतिनिधी मंडळांक म्हायती दिली . हाचे आदीं भारत सरकारान पाकिस्तान पुरस्कृत आतंकवादाच्या विरोधांत भारताची भुमिका स्पष्ट करपाखातीर वेगवेगळ्या देशांनी सात बहुपक्षीय प्रतिनिधी मंडळां धाडपाची घोशणा केल्ली. 59 संसद वांगड्यांचें हें शिश्टमंडळ फाल्यां सावन फुडल्या म्हयन्याच्या 5 तारखे मेरेन संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा मंडळाच्या वांगड्या सयत मुखेल भागीदार देशांक भेट दितलें. ह्या भेटी वेळार भारतीय प्रतिनिधी मंडळ आतंकवादाआड  शून्य सहिश्णुताय हो भारताचो खर संदेश आंतरराष्ट्रीय समाजा मेरेन पावयतले.

अमृतसर पंजाबात आयज तिरंगा यात्रा काडली. हजारांनी लोकानी ह्यावेळार तिरंगा यात्रेन्त वाटो घेतील्लो. पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याक सणसणीत जाप म्हूण केल्या  ऑपरेशन सिनदूरात भारतीय सेनादळांन केल्या कामगिरीचो मान भोवमान आनि आदर करपाखांतिर ही तिरंगा यात्रा जाता.

एनसीपीचे वडील फुडारी छगन भुजबळ हाणी आयज महाराष्ट्रातल्या म्हायुती सरकाराच्या मंत्रीपदाचो सोपूत घेतलो. राज्यपाल सी पी राधाकृषणन हाणी तांका सोपूत दिलो

दिल्लीच्यो मुखेल मंत्री रेखा गुप्ता हाणी आयज दिल्ली खेळ 2025 चे नवी दिल्लीत उक्तावण केले. फुडारातल्या, राष्ट्रीय , कॉमनवेलथ,आनी ऑलिम्पिकस सारख्या खेळांखातीर खेळगडे वेचून काडपाक आनी खेळगड्यांची तयारी जावपाक ह्या दिल्ली खेळ 2025 साची मदत जातली अशे ह्या वेळार उलयताना दिल्लीच्यो मुखेल मंत्री रेखा गुप्ता हाणी सांगले.

नामनेचो अणु शास्त्रज्ञ आनी अणुऊर्जा आयोगाचे आदले अध्यक्षडॉ.एम.आर.श्रीनिवासन आयज सवसाराक अंतरले. ताची पिराय 95 वर्सां आशिल्ली. भारताच्या नागरी अणुऊर्जा कार्यावळीचे  शिल्पकार म्हणू ते ओळखले वतात.भारतांतली पयली अणुभट्टी अप्सरा च्या निर्मणेत  ताणी  डॉ.होमी भाभा वांगडा वांटो घेतिल्लो.  १९५९ वर्सा देशांतल्या पयल्या अणुऊर्जा  केंद्राचो मुखेल प्रकल्प अधिकारी म्हूण ताची नेमणूक जाली. ताच्या

फुडारपणाखाला भारताच्या अणुऊर्जेच्या मुळाव्या बांदाव लीत नेटान वाड जाली. देशांत म्हत्वाचे उर्जा प्रकल्प बांदपाक ताणें व्हड योगदान दिलें. श्रीनिवासन हांका ताच्या अतुलनीय योगदाना खातीर पद्मविभूषण पुरस्कार फावो जालो.

आंतरराष्ट्रीय नामनेचो खगोलशास्त्रज्ञ आनी विज्ञान साहित्यिक जयंत नारळीकार आयज सवसारक अंतरलें. ताची पिराय 86 वर्सां आशिल्ली. भारत सरकारान पद्मभूषण आनी पद्मविभूषण पुरस्कार दिवन ताचो भोवमान केलो. पुण्यांत आयुका ही संस्था स्थापन करपाक ताचो व्हड वांटो आशिल्लो. भुरग्यांमंदी शास्त्रीय दृष्टीकोन रुजोवपा खातीर 'पोस्टकार्डाचेर विज्ञान' सारकिले अभिनव विचार ताणी चालीक लायले. ताच्या आत्मचरित्राक साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार फावो जालो. इतले मजगती राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आणि प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी खगोल शास्त्रज्ञ जयंत नारळीकार आनी अणु शास्त्रज्ञ डॉ.एम.आर.श्रीनिवासन ह्यांच्या निधनाचेर दुख्ख परगटायला.

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसांत कर्नाटकात उटागराचो पावस पडपांचो अदमास उक्तायला. तशेंच फुडल्या 3 दिसांत कर्नाटक तमिळनाडू, कोंकण, गोंय आनी महाराष्ट्रांतल्या काय वाठारांनी चड पावसाखातीरचों रेड अलर्ट जारी आयएमडीन केला.

IPL T20 क्रिकेट सर्तीत आयज दिल्लीच्या अरुण जेटली स्टेडियमांत चेन्नई सुपर किंग्स आनी राजस्थान रॉयल्स पंगडामंदी खेळ जातलो. हो खेळ सांजे 7:30 वरांचेर सुरू जातलो

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुंक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर